Regional News

22nd April 2025 7.20pm

New Veterinary College CM Rashmi - 80

नव्या शैकक्षणिक वर्सासांवन गोंय पशुवैजकी विज्ञान महाविद्यालय सुरू करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज दिली. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या अघध्यक्षतायेखाला आयज पर्वरे मंत्रालयात ह्या म्हाविद्यालयाविशी आयज खासा बसका जाली.

ह्या प्रकल्पाक लागपी जमीन, मुळावी बांदावळ सुदारप, कर्मचारी भरती, प्रयोगशाळा, लायव्ह स्टोक फार्म तशेचं हेर साधन सुविधा विंशीच्य कामांक आयज परवानगी दिल्या.

फोण्या - कुर्टी प्रस्तावीत केल्ल्या ह्या म्हाविद्यालयांत बीव्हीएससी आनी ए.एच अभ्यासक्रमाची 60 सीटा विद्यार्थ्यांखातीर आसतली अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान ह्या बसके उपरातं दिल्या.

पोप कार्डिनल बसका - 60

आयज कार्डिनलांची बसका जाले उपरांत, व्हॅटिकनान पोप फ्रांसिस हांच्या निमाणे संस्काराची येवजण, जाहीर केली. पोप फ्रांसिस हांचेर शेनवारा सेंट पीटर स्क्वेरात निमणे संस्कार जातले आनी फाल्यां सेंट पीटर बॅसिलिका हांगा, ताची कूड दर्शना खातीर दवरतले. पोप फ्रांसिस काल व्हॅटिकनांतल्या, आपल्या निवासस्थानार संवसाराक अंतरले. संवसार भरांतल्यान तांची, उदार-मतवादी सुदारक म्हणून याद कडून, श्रद्धांजली ओपल्या.

CM Bicholim Building -

दिवचलेच्या प्रशासकीय इमारतिचो लांब काळाचो प्रकल्प २०२७ मेरेन पुराय जातलो अशें मुखेल मंत्री दो प्रमोद सावंत हाणी सांगला.ह्या इमारतीचें भुमीपुजन रोकडेंच जातलें अशें मुखेल मंत्र्यांनी इमारतीखातीरच्या जागेची पळोवणी केल्या उपरांत सांगलें संबंदीत इमारतीचो प्रकल्प सुमार ८० कोटी रुपयांच्या खर्चाचो आसा.हे इमारतींत सगळीं सरकारी कार्यालयां आसपावीत करतले जेवरवीं सगळ्या नागरिकांक एकेच इमारतिंत सगळ्या कामाची सोर जातली अशें मुखेल मंत्र्यांनी सांगलें.

मये पॉलिटेक्निक सीएम -

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज मये पॉलिटेक्निक कॅम्पसक भेट दिली. मयेच्या ह्या पॉलिटेक्निकत सरकारावतीन नव्यान अधिक अभ्यासक्रम चालिक लायल्यात, अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार दिली. हे वेळार मुखेल मंत्र्यांना वांगडा मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट तशेच दिवचलचे आमदार चंद्रकांत शेट्ये हाजीर आशिल्ले. सम्बंधित पॉलिटेक्निकवरवीं नवे नवे अभ्यासक्रम भुरग्यांक उपलब्ध करून दिवपाचो सरकाराचो विचार आसा, अशे मुखेलमंत्र्यांनी सांगला. सम्बंधित पॉलिटेक्निकाचे प्रलंबित आशिल्ले काम, पावसाळ्यापयली पुराय करपाखातीर मुखेलमंत्र्यांनी आदेश दिल्यात.

NEP Jan -

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० प्रमाण माध्यमिक शाळा पांवड्यार वेवसायीक आनी तकनिकी शिक्षण सुरू जाल्यान सगळ्या शाळा मुखेल्यांनी नववी आनी धावेच्या विद्यार्थ्यांक लागीच्या उद्देगीक प्रशिक्षण संस्थेत व्हरून हाडचे अशें शिक्षण संचालनालयान मांगलां. शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी आयज हे संबंधीचे परिपत्रक जारी केला. माध्यमिक पांवड्यार आता वेवसायीक शिक्षण, कुशळटाय

शिक्षण तशेंच तकनिकी शिक्षण सक्तीचे आसतले. दरेका विद्‌यार्थ्यान उण्यांत उणी एक वेवसायीक वा तंत्रीक कुशळटाय शिकची पडटली आनी हेर वेगवेगळ्या कुशळटायेची वळख करून घेवंची पडटली अशें धोरणांत स्पश्ट केलां.

Earth Day – 110

आयज धर्तरेचो दीस. पर्यावरण संरक्षणाक तेंको दाखोवपा खातीर, हो दीस संवसारभर मनयतात. १९६९ वर्सा, युनेस्कोच्या शिखर सभेंत हो दीस सुचयल्या उपरांत, १९७० वर्सा पयलो धर्तरी दीस मनयलो. ह्या वर्साचो विशय “आमची शक्त, आमचो ग्रह” असो आसा. मजगती, केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह हाणी, संवसारीक धर्तरी दिसा लोकांक परबीं दिली. सोशल मिडियाचेर तांणी केल्ल्या पोस्टांत म्हणलां, की धर्तरी आवय, जिणेक पाळो दिता आनी वाड आनी उत्क्रांती खातीर गरजेची पर्यावरण पोसता. ग्रहाची भलायकी राखप आनी पुराय जतनाय घेवन, हे जापसालदारकीचेर शाह हाणी  भर दिलो. मोदी सरकार अखंड वचनबद्धतेन, टिकावू उदरगती खातीर जागतीक उपक्रमांचें फुडारपण करता, अशें तांणी सांगलें. धर्तरी बरी दवरपा खातीर अथक परिश्रम घेवपी संवर्धनवादींच्या यत्नांचीय घर मंत्र्यान तोखणाय केली.

सपनों की उडान – 120

वाचनाची आवड आनी गोडी लागचे खातीर  राष्ट्रीय संशोधन आणि प्रशिक्षण परिषदेन प्रकाशित केल्ल्या "विकसीत भारताच्या दिकेन आमचो प्रवास : सपना आनी आकांक्षा या तीन म्हयनाळया ई-मासिकाचे विद्‌यार्थ्यांक वाचन करपाक लावचे अशे आवाहन गोवा राज्य शैक्षणिक संशोधन आणि प्रशिक्षण संस्थेन केला. ‘सपनों की उडान’ ह्या तीन म्हयनाळया मासीकाचो दुसरो अंक प्रकाशित जाला. हे ई-नियतकालिक तरणाटयांक आनंददायी वाचनाखातीर प्रेरक थारतले. राज्यातल्या सगळ्या शाळांनी १ एप्रिल २०२५ सावन नवे शिक्षणिक वर्ष सुरू

केल्ल्यान ह्या ई-मासिकाचे सामूहिक पणान सगळ्या शाळांनी वाचन जांवचे अशे गोवा राज्य शैक्षणिक संशोधन आणि प्रशिक्षण मंडळान मांगला. हे ई-मासिक NCERT च्या अधिकृत वेबसाइटवेल्यान डाउनलोड करू येता. ल्हानपणासावन भुरग्याची सर्जनशीलताय, कल्पनाशक्त, टीकात्मक विचार आणि शब्दसंग्रह वाडोवन तांच्या वाचन आणि लेखन कौशल्यांची उदरगत करप हो हेत घेवन हे ई-मासिक तयार केला.

Congress – 80

नॅशनल हेराल्ड प्रकरणात कॉग्रेसीची अध्यक्षा सोनिया गांधी आनी फुडारी राहुल गांधी हांचे नाव पेड्यार करपाच्या फांटभुयेर राजकीय हेतान तांका ह्या प्रकरणात घुसपयला असो आरोप कॉग्रेसीचे सरचिटणिस नासिर हुसेन हांणी केला. पणजे कॉग्रेस हावसात घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले. अमंलबाजवणी संचालनालायन नॅशनल हेराल्ड प्रकरणात पैशाचो वा मालमत्तेचो वेव्हार जाला अशे खंयच पुराव्यासयत न्यायालयाक वा लोकांक दाकोंवक ना अशे ताणी म्हणला.ह्या पत्रकार परीशदेक कॉग्रेस प्रदेशाध्यक्ष अमित पाटकार, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, दक्षीण गोंयचे खासदार विरीयेतो फर्नाडीस तशेचं आदलो खासदार फ्रान्सिस सार्दीन हाजीर आशिल्ले.

Drugs Rashmi -

गोंय पुलिशेच्य घुवळी वखदा विरोधी फाट्यान आयज शिवोले 11.07 कोटी रुपयाची घुवळी वखदांचो वेव्हार करपी केरळाच्या एका नागरीकाका शिवोले अटक केल्या. पुलिशेकडल्यान मेळिल्ल्या म्हायतीप्रमाण ह्या मनशाचे नाव मोहम्मद अशे कळटा. तो फाटल्या पाच वर्सासावंन गोंयात राबीतो करता, तशेंच फ्लॅट आनी गाडओ भाड्याक दिवपाचो तो वेवसाय करता अशी म्हायती मेळ्ळ्या.ह्या कारवायेत पुलिशेन 11.07 कोटी रुपया बाजारभाव आशिल्ले LSD पुलिशेन जप्त केल्यात. हे विंशी फुडली कारवाय सुरु आसा.

वेदर -

राज्यांत चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमान वाडिल्ल्यान राज्यांतली गरमी सोसपा भायर वाडल्या.पणजेंचें तापमान चडांत चड ३५.७ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २६ अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां.हवामान खात्यान आयज राज्यांत कांय प्रमाणांत गडगडाटासयत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.फुडल्या सात दिसां खातीर राज्यांत चडांत चड तापमान ३५ तें ३६ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २६ तें २७ अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फुडल्या३ तें ४ दिसांत चडांत चड तापमान १ तें २अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा. २३ ते२७ एप्रील ह्या काळांत राज्यांतलें हवामान सुकें उरपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, राज्यांत १ मार्च तें २१ एप्रील ह्या काळांत सरासरी १२ मिमी आडवेळ्या पावसाची नोंद जाल्या.

क्रिकेट -

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत आयज लखनौ सुपर जायंट आनी दिल्ली कॅपिटल्स पंगडामदी लखनौच्या भारत रत्न श्री अटल बिहारी वाजपेयी एकना क्रिकेट स्टेडियमांत खेळ जातलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा.